सरकारान तुर्कीचे ग्राउंड हँडलिंग फर्म सेलेबी एअरपोर्ट सर्व्हिसेस इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेडची सुरक्षा मंजुरी तात्काळ रद्द केल्या.

जामिया मिलिया इस्लामिया हांणी तुर्की सरकारा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या संस्थां बरोबरचे सगळे सामंजस्य करार तात्काळ स्थगित केल्या.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी मत्स्यव्यवसाय क्षेत्राच्या प्रगतीचो नियाळ घेतलो.

लंडनच्या उच्च न्यायालयान हिऱ्याचो वेपारी नीरव मोदीची नवी जामीन याचिका भायर मारल्या.

युक्रेनचे राष्ट्राध्यक्ष वोलोदिमिर झेलेन्स्की हाणी इस्तांबुलांत रशिये बरोबर जावपा आशिल्ल्या शांतता चर्चेत आपूण हाजीर रावचो ना अशें जाहीर केलां.

खेळो इंडिया युथ गेम्स 2025चो काल सांजवेळा बिहारांत समारोप जालो.

BCAS-TURKEY - 160

सरकारान तुर्कीच्या ग्राउंड हँडलिंग फर्म सेलेबी एअरपोर्ट सर्व्हिसेस इंडिया प्रायव्हेट लिमिटेडची सुरक्षा मंजुरी तात्काळ रद्द केल्या. काल जारी केलल्या आदेशात, नागरी विमान वाहतूक सुरक्षा ब्युरोन म्हळां की राष्ट्रीय सुरक्षेच्या हिता खातीर हो निर्णय घेतला. ह्या कंपनी खातीर सुरक्षा मंजुरी बीसीएएसच्या महासंचालकान नोव्हेंबर-2022 वर्सा दिलली. सेलेबी एव्हिएशन दिल्ली, मुंबय, बेंगळुरू, हैदराबाद, गोंय, कोचीन, कन्नूर संयत णव शारांतल्या विमानतळांचेर प्रवासी हैंडलिंग, उड्डाण संचालन, cargo आनी टपाल सेवा तशेंच एरोब्रिज आणि वेअरहाऊस सेवाचे वेवस्थापन करता.

बीसीएएसच्या निर्देशाक पाळो दिवन दिल्ली आंतरराष्ट्रीय विमानतळ लिमिटेडन इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार ग्राउंड हैंडलिंग आनी कार्गो संचालन खातीर जापसालदार आशिल्ल्या सेलेबी संस्थां कडेन आपलो संबंद औपचारीकपणान सोपयला. सातत्य आनी परिचालन स्थिरताय सुनिश्चीत करपा खातीर, डायल सद्याच्या ग्राउंड हैंडलिंग  सेवा पुरवणदार - AISATS आनी बर्ड ग्रुपा कडेन सक्रियपणान समन्वय करता. कार्गो ऑपरेशन्सच्या बाबतीत, डायल कार्गो संचालन अखंडितपनाणं सुनिश्चित करपाखातीर पूर्व-मंजूर कार्गो हँडलरपैकी एकाची नेमणूक करपाचे दिकेन काम करता. इंदिरा गांधी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार  कार्गो आणि ग्राउंड हँडलिंग सेवांखातीर सेलेबी संस्थांनि सध्या कार्यरत आशिल्ल्या  कर्मचाऱ्यांक तात्काळ नव्या नियोक्त्याकडे हस्तांतरित करतले, अशी हमी डायलांन दिल्या.

JMU – 35

जवाहरलाल नेहरू विद्यापीठ (जेएनयू) उपरांत जामिया मिलिया इस्लामिया हांणी तुर्की सरकारा कडेन संबंदीत आशिल्ल्या संस्थां बरोबरचे सगळे सामंजस्य करार (एमओयू) तात्काळ स्थगित  केल्ल्याची घोशणा केली. सोशल मिडिया पोस्टांत जामियान  म्हळां, तें "राष्ट्रा  बरोबर खंबीरपनान उबें आसा."

PM Fisheries - 80

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या अध्यक्षतेखाला काल मत्स्यव्यवसाय क्षेत्राची प्रगती आनी फुडाराचे येवजणेचो नियाळ घेवपा खातीर बसका जाली. हे बसकेंत खोल दर्यांत नुस्तेंमारी आनी समुद्री खाद्य निर्यात हांचेर भर दिल्लो. हे बसकेक केंद्रीय नुस्तेमारी मंत्री राजीव रंजन सिंग आनी वरिश्ठ अधिकारी हाजीर आशिल्ले. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, सरकार ह्या वाठाराक खूब म्हत्व दिता आनी ह्या क्षेत्रा संबंदीत मुळावी बांदावळ सुदारपा खातीर व्हड प्रमाणांत वावर केला. देशांतल्या नुस्तेकारांक बाजारांत चड प्रवेश मेळपाची तशेंच रिणाची खात्री सरकारान केल्या अशें तांणी सांगलें.

NHRC – 135

धोकादायक स्वरुपाच्या कोयराची हातान सफाई करपाची पद्धत बंद करपा खातीर सर्वोच्च न्यायालयान दिल्ले 14 निर्देश बेगोबेग चालीक लावचे अशें राष्ट्रीय मानवाधिकार आयोगान सगळ्या राज्यांक सांगला. धोकादायक कोयर हातांन निवळ करपाची पद्दत चालू आशिल्ल्याच्या फाटभुयेर, आयोगान राज्या आनी केंद्र शासित प्रदेशांच्या सगळ्या मुखेल सचीवांक आनी प्रशासकांक पत्र बरोवन, सर्वोच्च न्यायालयान 2023 वर्साच्या आपल्या म्हत्वाच्या निकाला अंतर्गत दिलल्या 14 निर्देशांची तातडीन अंमलबजावणी जातली हाचि सुनिश्चिती करची अशे निर्देश दिल्यात.

ही पद्दत मानवी हक्कांचे खासा करून सन्मानासह जगपाच्या हक्काचे आनी कायद्यासमोर प्रत्येकजाण समान आशिल्ल्याच्या तत्वाचे गंभीर उल्लंघन आशिल्ल्याची बाबूय आयोगान नमूद केल्या. घटनात्मक आणि कायदेशीर संरक्षण आसून लेगीत देशांतल्या कांय वाठारांनी धोकादायक कोयर हातानी साफ करपा विशीचे वृत्त येता अशे निरीक्षण आयोगान नोंद केले. सर्वोच्च न्यायालयान अंदूं 29 जानेवारीक दिल्ली, मुंबय, चेन्नय, कोलकाता, बेंगळुरू आनी हैदराबाद ह्या स मुखेल शारांनी अशा पद्धतीन सफाई करपाक पुरायपणान बंदी घालपाची घोशणा केल्ली.

Nirav Modi – 80

लंडनच्या उच्च न्यायालयान हिऱ्याचो वेपारी नीरव मोदीची नवी जामीन याचिका भायर मारल्या. नीरव मोदी थंय काडयेत आसा आनी आपलो मामा मेहुल चोकसी बरोबर केल्ल्या 13 हजार कोटी रुपयांच्या पंजाब नेशनल बैंक PNB फटवणूक प्रकरणात भारतात वांछित आसा. नीरव मोदीन काल लंडन न्यायालयांत आपल्या प्रत्यर्पण विनंतीचेर निर्णय जाय मेरेन जामीनाचेर सुटका मेळची म्हूण मागणी केलि. क्राउन प्रॉसिक्युशन सर्व्हिसच्या आडवोगादान जामिनाच्या युक्तिवादांक खर विरोध केलो, ताका या खातीर लंडनाक गेलल्या तपास आणि कायदो अधिकाऱ्यांचो आस्पाव आशिल्ल्या सीबीआयच्या बळिश्ट पंगडान सक्षमपनान मदत केली.

INDIA-EU COLLABORATION - 105

भारत आनी युरोपीय संघ (EU) हांणी दर्यांतल्या प्लास्टीक कोयराचो प्रशन हाताळपाखातीर आनी कोयरांतल्यान हायड्रोजन तयार करपाखातीर तंत्रगिन्यान विकसीत करपाचो हेतू आशिल्ले दोन मुखेल संशोधन आनी नवनिर्माण उपक्रम सुरू केल्यात. 391 कोटी रुपयांची संयुक्त गुंतवणूक करून हे उपक्रम सुरू जाले. संवसारीक यत्न जाले तरी दर्याच्या प्रदुशणाक लागून जैवविविधतायेक धोको निर्माण जावपाक लागला, पर्यावरण यंत्रणेंत बादा येता आनी मनशाचे भलायकेचेर परिणाम जावपाक लागला. ह्या फाटभुयेर, भारत आनी युरोपीय संघटणेन दर्याच्या प्रदुशणाआड झुजपाखातीर एक सहकार्याचो कार्यक्रम सुरू केला, तातूंत दर्यांतल्या प्लास्टीक कोयराचेर खासा लक्ष केंद्रीत केलां. या सहकार्याचे कौतुक करतना, सरकारचे प्रधान वैज्ञानिक सल्लागार प्राध्यापक अजय कुमार सूद हाणी सहयोगी संशोधन हे नवोपक्रमाचो आधारस्तंभ आसा हाजेर भर दिला.

IMD – 85

भारतीय हवामान खात्यान फुडले तीन चार दीस देशाच्या ईशान्य वाठारांनी गडगड मारून उटनगराच्या पावसाचो अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान फुडल्या तीन चार दिसांत किनारी आंध्र प्रदेश, यानम, रायलसीमा, तेलंगणा, कर्नाटक, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, केरळ आनी माहे ह्या वाठारांनि गडगड, जोगला मारून आनी वादळी वारें मारपाचो अदमास उक्तायला. फाल्यां पंजाब आनी हरियाणात आनी आयतारा सावन जम्मू, काश्मीर, लद्दाख, गिलगित, बाल्टिस्तान-मुझफ्फरबाद, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, उत्तर प्रदेशात अशीच परिस्थिती आसपाची शक्यताय आसा. फुडल्या दोन ते तीन दिसांत बिहार, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी अस्तंत राजस्थानात कालोराच्या ल्हारांची शक्यताय आसा.

Khelo India –55

खेळो इंडिया युथ गेम्स 2025चो काल सांजवेळा बिहारांत समारोप जालो. पाटणाच्या पाटलीपुत्र खेळां संकुलांत रंग्याळया आनी मनरिजवण करपी समारोप सुवाळ्यान ह्या खेळांचो समारोप जालो. ह्या म्हयन्याच्या चार तारकेक खेळ सुरू जालले. ह्या सर्तीत महाराष्ट्रन 158 पदकां मेळोवन पयली सुवात मेळयली. 117 पदकां घेवन हरियाणान दुसरें स्थान मेळयलें, राजस्थानान 60 पदकां घेवन तिसरो क्रमांक मेळयलो.

Russia Ukraine – 80

युक्रेनचे राष्ट्राध्यक्ष वोलोदिमिर झेलेन्स्की हाणी इस्तांबुलांत रशिये बरोबर जावपा आशिल्ल्या शांतता चर्चेत आपूण हाजीर रावचो ना अशें जाहीर केलां.

पूण, दोनूय देशां मदलो तणाव उणो करपा खातीरच्या प्रयत्नांक पाठिंबो दिवपाखातीर युक्रेन संरक्षण मंत्री रूसतेम उमेरोव हांच्या फुडारपणा खाला शिश्टमंडळ धाडतले. अंकारात उलयतना राष्ट्राध्यक्ष झेलेन्स्की हांणी संवादाखातीर युक्रेनच्या वचनबद्धतेची पुष्टी केली पूण रशियेच्या हेता विशीं दुबाव उक्तायलो. मॉस्कोच्या प्रतिनिधीं मदीं मुखेल निर्णय घेवपी अधिकारी नाशिल्ल्याचें तांणी नदरेक हाडलें. अमेरिकेचे परराष्ट्र मंत्री मार्को रुबियो हाणी बहुप्रतिक्षित शांतता चर्चेत सहभागी जावचो ना अशे म्हळां.